08/11/2025 आकाशवाणी पणजी 6.30 PM

## राष्ट्रीय खबरो

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज आंगोला आनी बोत्स्वानाक भेट दिवपाक भायर सरल्यात .भेटीच्या पयल्या पांवड्यार राष्ट्रपती आंगोलाच्या अध्यक्षाच्या आपोवण्यावेल्यान आंगोलाक भेट दिवून आंगोलाच्या 50व्या स्वातंत्र्य दिसाच्या कार्यावळींत वांटेकर जातल्यो. तशेंच त्यो भारतीय समाजा कडेन संवाद सादतल्यो . उपरांत राष्ट्रपती 11 नोव्हेंबराक बोत्स्वानाक भेट दितल्यो आनी बोत्स्वानाच्या अध्यक्षा कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करतल्यो. ह्या भेटी वेळार दोनूय फुडारी सद्याच्या द्विपक्षीय संबंदांचो नियाळ घेतले आनी नव्या वाठारांनी सहकार्याच्या शक्यतायेचेर विचार करतले. तशेच वेपार, संरक्षण, भलायकी, मुळावी बांदावळ आनी लोकां संबंदांत विविधताय ह्या मळार भासाभास जावपाची आस्त आसा.

उप राष्ट्रपती सी.पी राधाकृष्णन हाणी जैन हातबरपां सांबाळून दवरपा खातीर सरकाराच्या ज्ञान भारतम मोहीमेची आनी प्राकृत भाशेक अभिजात भाशेचो दर्जो दिवपाच्या निर्णयाची तोखणाय केली. नवी दिल्लींत आचार्य हंसरत्न सुरेश्वरजी महाराजाच्या आठव्या १८० उपवास पर्ण सुवाळयाक संबोधीत करतना तांणी सांगलें कि शांतताय आनी संवसारीक मान्यताय मेळोवपाक जैन धर्माचें अफाट योगदान आसा.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज वाराणसी रेल्वे स्टेशना वयल्यान चार नव्या वंदे भारत एक्सप्रेस गाडयांक पांचवो बावटो दाखयलो.
आयज उत्तर प्रदेशाचे उदरगतीक लागून पर्यटनाच्यो व्हड संदी निर्माण जाल्यात आनी संवसारांतल्या विकसीत देशांच्या अर्थीक वाडीत मुळाव्या साधनसुविधांचो म्हत्वाचो वांटो आसा अशें प्रधानमंत्रांनी सांगलें.

संसदेचें गिमाळे अधिवेशन 1 डिसेंबर ते 19 डिसेंबर 2025 मेरेन आपोवपाच्या सरकाराच्या प्रस्तावाक राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी मान्यताय दिल्या अशी म्हायती संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजून सोशल मिडिया पोस्टावरवीं दिल्या. तशेंच 19 डिसेंबर मेरेन चलपी ह्या अधिवेशनांत लोकशाय घटमूट करपाच्या आनी सामान्य नागरिकांची आकांक्षा पुराय करपाच्या हेतान सकारात्मक चर्चा जातली अशी आस्त तांणी उक्तायल्या

बिहार वेचणूकेच्या दुस-या पावंड्यावेलो प्रचार पावलो तेंगशेर. वेगवेगळया राजकी पक्षांचे फुडारी मतदारांक आकर्षित करपाचे सगळे यत्न करतात. एनडीए फकत उदरगतीचेर न्हय तर राज्याचें दायज सांबाळपाचेरूय लक्ष केंद्रीत करता अशें अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी

सीतामढ़ींत जाल्ले भौशिक सभेत सांगलें. तशेच बेतियात घेतल्या आनीक एक भौशीक बसकेंत उलयतना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें
मजगती घरमंत्री अमित शाहा हाणी पूर्णियात जाल्ले भौशीक बसकेंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी मुख्यमंत्री नीतीश कुमार हांच्या फुडारपणा खाला बिहार विकसीत राज्य जावपाचे वाटेर आसा अशें सांगलें.
इतले मजगती दुसरे वटेन काँग्रेसीचे वरिश्ठ फुडारी प्रियंका गांधी हाणी कटिहार जिल्ह्यांत जाल्या वेंचणुक रॅलीक संबोधीत केलें. महागठबंधनाचे मुख्यमंत्रीपदाचे उमेदवार तेजस्वी यादव हांणी जमुईंत वेंचणुकेच्या रॅलीक संबोधीत करतना बेरोजगारीची समस्या सोडोवपाक आपूण बंदील आसा अशें सांगलें. महागठबंधन सत्तेर आयल्यार लोकांक दिल्ले सगळे आश्वासन पुराय करतले अशी आश्वासन तांणी दिले .

उत्तराखंड स्थपणूकेच्या रुप्या महोत्सवी कार्यावळीत वांटेकर जावपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां देहरादूनाक भेट दितले. ह्या वेळार ते यादस्तीक टपाल तिकिट जारी करतले आनी मेळाव्याक मार्गदर्शन करतले. तशेंच 930 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण आनी 7हजार 200 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या प्रकल्पांचो बुन्यादी  फातर घालतले..

नवी दिल्लीच्या राष्ट्रीय संग्रहालयांत दवरिल्ले भगवान बुध्दाचे पवित्र अवशेश आयज 11 दिसांच्या प्रदर्शना खातीर भूतानाक धाडले. समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्री  डॉ. वीरेंद्र कुमार हे अवशेश व्हरपी शिश्टमंडळाचें फुडारपण केले .हें प्रदर्शन थिंफु हांगा जावपी संवसारीक शांतताय प्रार्थना महोत्सवाचो एक भागआसा  अशें संस्कृती मंत्रालयान सांगलां.

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या स सात दिसांत वायव्य आनी लागसारच्या मध्य भागांत रातचें तापमान सामान्या परस दोन ते पांच अंश सेल्सियस सकयल देंवपाची शक्यताय आसा अशें सांगलां. मजगतीं, दिल्ली-एनसीआर वाठारांतल्या हवेचो दर्जो सामकोच वायट श्रेणीत आसा.

इजिप्तांत जाल्ले आयएसएसएफ संवसारीक नेमबाजी सर्तींत भारतीय शूटर रविंदर सिंग हाणे दादल्यांच्या 50 मीटर पिस्तूल सर्तींत भांगरा पदक जिखलें.